Panaji national

21.6.2025 at 6.30 pm

Pm yog 130

आज जगाच्या वेगवेगळ्या भागात वाढटो ताणतणाव, अशांतता आणि अस्थिरतायेमदी योग शांतीचो मार्ग दाखयता अशे आंध्र प्रदेशात विशाखापट्टणमात सैमिक दर्यादेगेर ११ व्या आंतरराष्ट्रीय योग दिसाच्या समारंभात प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी उलयताले. योग हो मानवतेक श्वास घेवपाक, संतुलन राखपाक आणि परत पुराय जावपाक आवश्यक आसलेलो विराम बटण आसा अशे ते उलयले. या वेळार , त्यांनी जागतिक समुदायाक योग दिसाक योग फॉर ह्युमॅनिटी २.० ची सुरुवात म्हणून मनोवपाचे खासा आवाहन केले  जय आंतरिक शांती जागतिक धोरण जाता. योग फक्त वैयक्तिक सराव म्हण उ रचो न्हय तर जागतिक भागीदारीच माध्यम म्हणून विकसित जावचो हाचेर त्यांनी भर दिला. त्यांनी प्रत्येक राष्ट्र आणि प्रत्येक समाजाक योगाक त्यांच्या जीवनशैली आणि सार्वजनिक धोरणात आसपावित करपाचे आवाहन केले. शांततापूर्ण, संतुलित आणि शाश्वत जग मुखार व्हरपाक सामूहिक प्रयत्नांची कल्पना  मोदीनी केली, योगान जगाक संघर्षापासून सहकार्याकडे आणि तणावापासून उपायांकडे मार्गदर्शन करता अशे ते उलयले

Yog  80

११ व्या आंतरराष्ट्रीय योग दिसानिमित्त लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी संसदेच्या आवारात योगासना केली. तर केंद्रीय भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी कर्तव्य पथार, परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर यांनी नेहरू पार्कात, कृषी मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी लखपती दीदींसयत पुसा हांगा . गृहनिर्माण आणि शारी व्यवहार मंत्री मनोहर लाल हाणी जंतरमंतराचेर आणि युवा व्यवहार आणि खेळामंत्री मनसुख मांडवीय यांनी फिट इंडिया अँबेसेडरसयत आयजी स्टेडियमात योग दिसाच्या कार्यक्रमात योगासना केली. मजगती दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हाणी खासदार मनोज तिवारी हांचेसयत  यमुनेच्या काठार योगासना केली.

आकाशवाणी योग 25

राष्ट्रीय राजधानींतल्या आकाशवाणी मुख्यालयांतय खाशेलें योग सत्र आयोजीत केल्लें. आकाशवाणीचे महासंचालक डॉ प्रज्ञा पालीवाल गौर, एडीजी एल मधुनाग, अधिकारी आनी कर्मचाऱ्यांनी ह्या कार्यावळींत वांटो घेवन योगासनांचो अभ्यास केलो.

सौदी योग 35

रियाधांतल्या भारतिय दूतावासान प्रिन्स फैसल बिन फहद स्पोर्ट्स सिटी स्टेडियमार आयज 11वो आंतरराष्ट्रीय योग दीस मनयलो . साउदी अरेबियांतल्यान 500 वयर योग मोगी लोकांनी ह्या कार्यावलिनी वांटो घेतलो. वैयक्तीक कल्याण आनी जागतीक एकचाराक चालना दिवपाचेर ह्या कार्यावळींत भर दिलो.

Solar 90

घराच्या पाख्यावेली सौर आणि पुनर नवीकरणीय उपक्रमांक चालना दिवपाक सरकारान स्टार्ट-अप आव्हान सुरू केला. नवीन आणि पुनर नवीकरणीय ऊर्जा मंत्रालयान पाख्यावेल्या सौर आणि वितरित नवीन उपक्रमांक गती दिवपाक नाविन्यपूर्ण प्रकल्प स्टार्ट-अप आव्हान सुरू केला. ह्या आव्हाना चो उद्देश भारताच्या पाख्या वेली आणि वितरित ऊर्जा परिसंस्थेस खातीर यशस्वी उपाय ओळखप . आणि ताका ते को दिवव ही आसा. हातुंत चार प्रमुख श्रेणींर लक्ष केंद्रित केला- परवडणारी क्षमता, लवचिकता, समावेशकता आणि पर्यावरणीय शाश्वतता हो आसा.पयलो पुरस्कार १ कोटी , दुसऱ्या पुरस्काराक ५० लाख तिसरो पुरस्कार ३० लाख आणि प्रत्येकी ५ लाख रुपयांची १० बलीसां आसात

इराण 140

इराणांतल्यान भारतीयांक हाडपी एक खासा विमाना तुर्कमेनिस्तानांतल्या अशगाबातल्यान नवी दिल्ली पावले. आतां मेरेन इराणांतले 517 भारतीय नागरिक ऑपरेशन सिंधू खाला आपल्या घरा परतले. इझ्राएल आनी इराण हांचे मदीं चालू आशिल्ल्या संघर्शाक लागून भारतीय नागरिकांक इराणांतल्यान भायर काडपा खातीर ही कारवाय सुरू केल्या. काल रातीं 290 भारतीय नागरिकांक घेवन विमान नवी दिल्ली पावली.

प्रादेशिक एकचाराचे एक उदहारण  म्हूण भारतान ऑपरेशन सिंधु खाला  इराणांत आडखून उरिल्ल्या  नेपाळ आनी श्रीलंकेच्या नागरिकांक  परत हाडपाचो  आस्पाव केला. एक्सचेर केल्ल्या पोस्टा प्रमाण नेपाळ आनी श्रीलंका सरकारांनी केल्ल्या औपचारीक विनंती उपरांत हो निर्णय घेतला

आतां तेहरानांतलें भारतीय दूतावास भारतीय नागरिकां वांगडाच ह्या  दोनूय शेजारि देशांच्या नागरिकांक इरानंतल्यान भायर कांडपांक मजत करतले

स्पॉट्स 45

काल रातीं स्टेड सेबास्टियन शार्लेटी हांगा जाल्ले पॅरिस डायमंड लीग 2025 सर्तींत भारताचो स्टार नीरज चोपडान दादल्यांच्या भालाफेक  सर्तींत जैत मेळयलें. दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक जिखपी चोपडान पयल्या यत्नांत 88.16 मीटराच्या सर्वोत्तम प्रयत्नांनी खिताब जिखलो. जर्मनीचो ज्युलियन वेबर हाणे  87.88 मीटर भालो फेक करून  दुसरो क्रमांक मेळयलो.

वेदर 30

भारतीय हवामान खात्यान ह्या म्हयन्याचे 25 तारखेमेरेन वायव्य आनी मध्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी वादळी पावसा पडपाचो अदमास उक्तायला. फुडल्या कांय दिसांनी पावस उत्तर आनी मध्य भारतांत फुडें वतलो अशें imdन सांगलां.